# ग्राम पंचायत वेंचणूक

ता. 8 ऑक्टोबर 2017
17 कार्तिक 1939

राज्य वेंचणूक आयोगान कासरवर्णे, हळर्ण आनी चांदेल-हंसापूर ह्या तीन ग्राम पंचायतीची सार्वत्रिक वेंचणूक आनी पालये ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, उगें पंचायतीचो वार्ड-7, मडकय पंचायतीचो वार्ड-1 आनी कुंडय पंचायतीचो वार्ड-1 ची पोटवेंचणूक ता. 10 डिसेंबर 2017 दीसा घेवपाचे जाहिर केला.

पेडणे, फोंडे आनी सांगे म्हालाच्या मामलेदाराची निर्वाचन अधिकारी म्हुण नेमणूक केल्या. निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कार्यालयात 26 नोव्हेंबराचो आयतार सोडून ता. 21 ते 28 नोव्हेंबर 2017 मेरेन सकाळी 10.00 ते दनपरा 1.00 वरामजगती उमेदवारी अर्ज स्वीकारतले.

उमेदवारी अर्जांची उजळणी ता. 29 नोव्हेंबर 2017 दिसा जातली. 30 नोव्हेंबराक सकाळी 10.00 ते दनपरा 2.00 वरांमेरेन उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाक मेळटले.

ता.10 डिसेंबर दिसा सकाळी 8.00 ते सांजवेळा 5.00 मेरेन मतदान जातले. मतमोजणी ता. 11 डिसेंबर दीसा सकाळी 8.00 वरांचेर सूरू जातली. सर्वसामान्य वर्गातल्या उमेदवाराक रू. 100 आनी राखीव वर्गातल्या बायला वा एस/एसटी/ओबीसी उमेदवाराक रू. 50 निर्वाचन अधिकाऱ्याकडेन जमा करचे पडटले. प्रत्येक उमेदवाराखातीर खर्च मर्यादा रू. 40,000/- आसा.